# रक्षक पुरस्काराखातीर अर्ज

ता.4 मे 2018
14 वैशाख 1940

समाजातल्या महिलांप्रती आदर आनी प्रतिश्ठा दाखोवपाक प्रोत्साहन दिवपाच्या उद्देशान महिला आनी भुरगीं उदरगत संचालनालयावतीन प्रत्येक वर्सा 15 ऑगस्टाक स्वातंत्र्य दीसा गोंय राज्यातल्या दोन व्यक्तीक रक्षक पुरस्कार भेटयतात. मानपत्र आनी रौख 20 हजार अशें पुरस्काराचे स्वरूप आसा.

घरात, कामाच्या जागेर वा हेर खंयच्याय भौशीक जाग्यांचेर महिला आनी भुरग्यांआड जावपी कसल्याय हिंसा वा अत्याचारावेळार त्या महिलेक वा भुरग्याक संरक्षण दिवपाक वा मदत करपाक धाडस दाखोवपी व्यक्तीक हे पुरस्कार दितात. पुरस्काराखातीर अर्ज करपी व्यक्ती संबंधित वर्साच्या 1 जानेवारीसावन फाटली 5 वर्सा गोंयात राबीतो करपी आसपाक जाय आनी कमीत कमी फाटली दाने वर्सा राज्यात काम करपी आसपाक जाय. एकाच वर्सा अशाच तरेच्या कार्याखातीर खयचोय हेर पुरस्कार घेतलेलो आसपाक जायना तशेंच 1 जानेवारी 2018 मेरेन व्यक्तीची पिराय 25 वर्सा वयर आसपाक जाय.

पात्र व्यक्तीनी अर्ज आनी कार्याच्या माहितीची सीडी आनी विहित नमून्यातलो अर्ज ता. 5 जूलय 2018 मेरेन महिला आनी भुरगीं उदरगत संचालनालय, शिक्षण खात्याची पोरणी इमारत, 18 जून मार्ग पणजी हांगा सुपूर्द करचे.

अर्ज आनी हेर माहितीखातीर 2235308 वा 2426112 ह्या फोन नंबरावयाल्यान खात्याच्या कार्यालयात संपर्क करचो.